**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची परबीं**

ता. 18 डिसेंबर 2020

गोंयचे राज्यपाल श्री. भगतसिंग कोश्यारी हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा,गोंय मुक्ती दिसाच्या ह्या इतिहासीक प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी हुनहुनीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयता.

1961 वर्सा ह्याच किर्तवंत दिसा भारतीय लश्कराच्या दळांनी धाडस आनी शौर्य दाखोवन गोंयांक 450 वर्सांच्या पोर्तुगीजांच्या परकीय जोखंडातल्यान मुक्त केले आनी गोंय भारताचो अविभाज्य भाग जालो.

गोंय मुक्ती खातीर जांणी आपल्या जीणेचो त्याग केलो, त्या सगळ्यां म्हान दादल्या-बायलांचो उगडास करून तांचेप्रती कृतज्ञताय उक्तावपाचो हो प्रसंग जावन आसा. गोंयांक तेंकून आशिल्ल्या राज्यांतल्या अनेक लोकांनी गोंय मुक्ती चळवळीत गोंयच्या लोकांवांगडा वाटो घेतलो आनी त्या खातीर आमी तांचे उपकार मानपाक जाय. तशेंच ह्या प्रसंगार आमी धाडसी आनी पराक्रमी जवांन तशेंच धैर्यवंत आनी निसुवार्थ स्वातंत्र्य सैनिकांक मानवंदनां दिवप योग्य थारतले.

गोंय न्हय फकत विशाल दर्यादेगो, भव्य पुरातन चर्चीं आनी सोबीत देवळां खातीरच फामाद ना. गोंय हे हांगाचे उमेदी, शांतीप्रिय, मोगाळ आनी कश्टकरी लोकांखातीरय म्हान आसा, जांणी कला, साहित्य, संगीत, वास्तुकला, पर्यटन, विज्ञान, तंत्रज्ञान आनी भौशीक जीणेसारख्या वेगवेगळ्या मळार व्हड योगदान दिल्ले आसा.

मुक्ती उपरांतच्या काळांत गोंयान लोकांच्यो सामाजीक-आर्थिक आशांआकांक्षां पुर्ण करपा बाबतीत भरारी मारल्या. गोंय हे देशातले एक चड विकसीत राज्य जावन आसा आनी आमकां प्रत्येकाक ताचो अभिमान आसपाक जाय. देशात गोंयचे per-capita income चड आसा ही अभिमानाची गजाल जावन आसा. फाटल्या कितल्याशाच वर्सां सावन सरकार कल्याणकारी येवजणांची अंमलबजावणी करता. रस्ते, रेल्वे, विमानतळ आनी पुल बांदणी अशा मळार साधनसुविधां निर्माण करून राज्याचो विकास करपाचेर सरकारान भर दिल्लो

आसा.  गोंय हे जगातले एक म्हत्वाचे पर्यटन स्थळ जावन आसा आनी पर्यटन क्षेत्र राज्याच्या येणावळीत म्हत्वाची भर घालता. तशेंच गोंय सामाजीक सलोखो आनी शांतीकायेखातीर फामाद आसा.

म्हजे सरकार गोंयची उदरगत आनी विकासाखातीर तोखणायेचो वावर करता. कोरोना म्हामारीचेर नियंत्रण दवरपा खातीर राज्यांतल्या वेगवेगळ्यां यंत्रणांनी आनी frontline Corona वॉरियरांनी केल्ल्या वेवस्थापनाची NITI आयोगान तोखणाय केल्ली आसा. प्रधानमंत्र्यांनी सुरू केल्ले "आत्मनिर्भर भारत" अभियान यशस्वी करपा खातीर गोंय सरकारान "स्वयंपुर्ण गोंय" अभियान सुरू केला आनी हे उद्दीश्ट साध्य करपा खातीर सर्वकश नियोजन करून यंत्रणां कामाक लागल्यात.

गोंय मुक्तीच्या ६० व्या वर्साक सुरवात जाता आशिल्ल्यान ह्या वर्सा ह्या उमेदीच्या दिसाक खास म्हत्व आसा. गोंय मुक्तीचे हे ६० वे वर्स मोठ्या दबाजान मनोवपाचो सरकारान निर्णय घेतला. गोंय मुक्तीच्या ६० व्या वर्स आरंभाच्या सुवाळ्यात राष्ट्रपती सहभागी जावपाचे आसात ही उमेदीची गजाल जावन आसा. वर्सभर जावपी कार्यक्रमातल्यान राज्याची कला, संस्कृती आनी राज्यान फाटल्या ६० वर्सांच्या काळांत केल्ल्या प्रगतीचे प्रदर्शन घडयतले.

ह्या म्हत्वाच्या दिसा आमी सगळ्यांनी गोंय हे देशातले एक उत्कृश्ट राज्य करपाचो संकल्प करूया. तशेंच आमच्या समृध्द सांस्कृतिक वारशाचे जतन करपा खातीर हातांत हात घालून काम करूया, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ २०२०/७३७

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji